गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

## मुख्यमंत्र्यान अटल ग्राम विकास यंत्रणेची बसका घेतली

ता. 31 ऑगस्ट 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सचिवालयांत अटल ग्राम विकास यंत्रणेच्या अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेवन विकास कामांचेर चर्चा केली. अटल ग्राम विकास यंत्रणे वतीन अंमलबजावणी करपात येवपी प्रकल्प आनी येवजणांनी पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपाचेर आनी राज्यात उपलब्ध आशिल्ल्या साधनसुविधांचो दर्जो वाडोवपाचेर भर दिवपाची गरज मुख्यमंत्र्यान उकतायली. अटल ग्राम विकास यंत्रणेच्या येवजणांखाला ग्रामीण वाठारांत वेगवेगळ्यां प्रकल्पांची अंमलबजावणी करून ग्रामीण वाठारांच्या विकासाक हातभार लायिल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान यंत्रणेचे अध्यक्ष, वांगडी आनी अधिकाऱ्यांचे अभिनंदन केले.

विकासाच्या कामांखातीर निधीची वेवस्था करपाक यंत्रणेन आदिवासी कल्याण, पंचायत आनी हेर खात्यांकडेन समन्वय सादपाक जाय, जेणे करून निधीची कमतरता जावची ना, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

उत्तर गोंयांत आदिवासी लोकांची अदीक लोकसंख्या आशिल्ले गांव अटल ग्राम विकास यंत्रणेकडेन आसपावन घेवपाची गरजय मुख्यमंत्र्यान उकतायली.

बसकेत उत्तर गोंयचो सुर्ला गांव आनी दक्षिण गोंयचो भाटी गांव अटल ग्राम विकास यंत्रणेखाला दत्तक घेवपाचो निर्णय घेतलो. यंत्रणेचे प्रकल्प संचालक श्री. विजय सक्सेना हांणी यंत्रणेच्या येवजणांची म्हायती दिली.

बसकेक मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, यंत्रणेचे अध्यक्ष श्री. सुभाष वेळीप, दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायत अध्यक्ष श्री. नवनाथ नाईक , यंत्रणेचे संचालक श्री. सतीश गांवकर, प्रकल्प अधिकारी श्री. मयुरेश शेट्ये हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/556

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-